२१-०३-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

e- मुद्रांक - १००

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी काल e- मुद्रांक म्हणल्यारूच e - stamping सुविधा launch केली.ह्यावेळार महसुल खात्याचे मंत्री बाबुश मोन्सेरात तशेंच मुखूल सचीव वी केन्डावेलु हाजीर आशील्ले. ह्या सुविधेवरवी 10 हजार वा 10 हजारावयलेलो stamp duty वीशींचो वेव्हार e -stamping वरवी अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या. जाल्यार 1एप्रीलासांवन ही सेवा कार्यरत जातली .ही सुविधा चालीक लावपाक सरकारान stocking corporation of India कडेन कबलात केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. ह्यावेळार आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणेखातीर गोंय महसुल खात्यान माझगांव डोक कडे e- stamping सुविधेवरवी कबलात केली. stamping चो वेव्हार पारदर्शक जावचो ,digital जावचो,तशंच stamping दरम्यान जावपी घोटाळ्यांक पुर्णविराम वावपाच्या हेतान ही सेवा उपलब्ध केला.

digi smart - १६०

वीज खात्यावरवी smart pre paid meter बसोवपाखातीर digi smart network pvt.ltd ह्या कंपनीक सरकारान कंत्राट दिला. सुरवेक वेवसायीक आनी 3 phase वीज गीऱ्हायकांक हेमीटर बसयतले.घरगुती वीज धारकांक वीजेचे हे स्मार्ट मीटर

आता तरी बसोवचे ना अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगला. ते मंत्रीमंडळाच्या बसकेउपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत उलयताले.

ताळगांवचो श्यामा प्रसाद मुर्खजी स्टेडीयम भौशीक खाजगी भागीदारी तत्वाचेर 10 वर्साखातीर चलोवपाक दीवपाचो निर्णय कालच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत जाला.dome entertainment private ltd. ह्या कंपनीक हे कंत्राट दीला.सरकारी कार्यावळीक हो स्टेडीयम सरकाराक विनाशुल्क मेळटलो,मात हेर दीसांनी ताचो उपेग जावन तातूंतल्यान सरकाराक महसुल मेळचो ह्या हेतान हो निर्णय घेतला.हातुल्यान सरकाराक म्हयन्याक 25 लाख 25 हजार महसुल मेळटलो अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यानी दिली.

हे शिवाय पिवपाच्या उदकाच्या खात्याचे नेम, गोवा होमीयोपॅथी विधेयक,तशेंच गोय वैजकीय म्हाविद्यालयात कंत्राटी पद्धतीचेर दोळ्यांचो दोतोर नेमपाचो निर्णय , कालच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत जाला. विकसीत गोवा 2037 करपाच्या फांटभुयर सरकारानcorporate chanakya services pvt ltd कडे कबलात केला. वेगवगळ्या मळार सुधारणा करपाखातीर सुचोवण्यो, तशेंच रल्लो qr code वरवी ह्यानफुडे लोकांकह्या सेवेवर दीवपाक मेळटल्योअशी म्हायती मुखेलमंत्र्यानी दील्या.

टॅक्सी - ८०

खासगी टॅक्सी खातीर ॲपाचेर आधारीत आनी टॅक्सी चालकांक चडान चड लाव दिवपी सरकारी भाडे, ड्रायव्हराची उदरगत येवजण सुरू जातली. हे येवजणेखातीर टॅक्सीवाल्यांक ॲप घेवचो पडटलो, अशें येरादारी मंत्री मॉविन गुदिन्हो हांणी सांगलें.

टॅक्सीकार भावानी आपणाक जाय तो ॲप घेवचो. ॲप घेतल्या उपरांत तांका मीटर लेगीत बसोवपाची सक्ती आसची ना. ॲपाक लागून भाड्याचे अंतर आनी भाड्याची पयशाची नोंद सरकाराकडेन जातली. भाड्याचे पयशे ड्रायव्हराक मेळटले. हे येवजणेचो मसुदो जाहीर जावन ताचेर सुचोवण्यो मागतले. सुचोवण्यांचो विचार करून येवजण तयार जातली, अशी माहिती येरादारी मंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांणी दिली.

पणजी महानगरपालिका - ९०

पणजी म्हानगरपालीकेन 2025-26 अर्थिक वर्साखातीरचो अर्थसंकल्प काल सादर केलो. 2025-26 वर्सात म्हापालीकेक 120 कोटी रूपया महसुल मेळटलो जाल्यार 118 कोटी रूपया खर्च जातलो,जाल्यार उदरगतीच्या कामांखातीर 20 कोटी रूपया खर्च करतले अशी म्हायती महापौर रोहीत मोन्सेरात हांणी दील्या. म्हानगरपालीकेची अर्थिक स्थीती घटमुट आसा अशे मोन्सेरात हांणी सांगला.म्हापालीकेन बऱ्यापैकी येणे वसुल केला अशीय म्हायती तांणी दील्या.

इतले मजगती आदलो महापौर सुरेंद्र फुर्तादो हांणी म्हानगरपालीकेन दील्लो हीशोब चुकीचो आसा असो आरोप केला. CCP चो फुल फोर्म म्हणल्यार copy cut paste असो थोमणोय तांणी मारला.म्हापालीके घरपटीच्या रूपान मेळपी सुमार 80 कोटी येणे वसुल कूल्लो ना अशे फुर्तादो हांणी म्हळा.

कार्यशाळा - ११०

अखिल गोंय रसायनशास्त्र शिक्षक संघटणेन एससीईआरटी आनी पारुल विद्यापीठ, गुजरात हांच्या सहकार्यान गोंयांतल्या उच्च माध्यमीक शाळांनी रसायनशास्त्र शिकोवपी शिक्षकां खातीर एक प्रशिक्षण कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. विद्यार्थ्यांक रसायनशास्त्र शिकप सोंपें आनी आनंददायी करपा खातीर शिक्षकांक प्रशिक्षण दिवप हो हे कार्यशाळेचो हेत आसा.

ह्या कार्यशाळेत पाठांतरांक वाव ना अशे प्रस्न विचारून विद्यार्थ्यांची तांक तपासपी प्रस्नपत्रिका तयार करप, रसायनशास्त्र विषय शिकयताना, शिकप सोंपें करपाक वेगवेगळे उपाय आपणावप, रसायनशास्त्रांत विषयात जाल्ले नवे संशोधन आनी ताचो अभ्यासक्रमातलो आसपाव अशा वेगवेगळ्या विषयांचेर सत्रा जातली. २७ मार्च दिसा जावपी पोन्ने गोयां जावपी ह्या एका दिसाच्या कार्यशाळेत राज्यातल्या सरकारी आनी अनुदानित शाळांनी रसायन शास्त्र शिकोवपी शिक्षकांनी वांटेकार जांवचे अशे आवाहन परवरेच्या राज्य शिक्षक प्रशिक्षण संस्थेन केला.